**.67 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या सर्तींखातीर सॅपाक टॅकरो आनी जिमनेस्टिक  निवड चाचणी**

6 डिसेंबर 2023

नवी दिल्ली आनी मध्य प्रदेश हांगा जावपी 67 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय सर्तींत सॅपाक टॅकरो आनी जिमनेस्टिक खेळा प्रकारात  गोंय राज्याचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर खेळगड्यांच्या पंगडांची निवड करपाक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान सकयले प्रमाण निवड चाचण्यांचे आयोजन केला.

सॅपाक टॅकरो अ- 14 (चले आनी चलयो) पंगड निवडपा खातीर  7 आनी 8  डिसेंबर 2023 दिसा खेळा प्रकल्प, बोरीमळ-केपे हांगा सकाळी 9.00 वरांसावन निवड चाचणी जातली. ह्या निवड चाचणी खातीर अजीत देसाय (मो. नं. 9850820059) हे प्रभारी अधिकारी आसात.

तशेंच जिमनेस्टिक अ-17 आनी अ- 19 (चले आनी चलयो)  निवडी खातीर नावनोंदणी करपाक  7 डिसेंबर 2023 मेरेन व्हिडिओ आनी प्रमाणपत्रां सयत खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल हांगा पांडुरंग बी. नाईक (मो. नं. 8830681588)  हांचे कडेन संपर्क करचो.

जिमनेस्टिक खेळगड्यांनी राष्ट्रीय सर्तींनी वाटो घेतिल्लो आसपाक जाय तशेंच निवड चाचणीक हजर रावपी खेळगडो शाळा/ज्युनियर कॉलेजीचो नियमित विद्यार्थी आसपाक जाय. खेळगड्यांनी निवड चाचणी खातीर वयल्या संबंदीत तारखेच्या दिसा आनी थळार  सकाळी 9.00 वरांचेर  प्रभारी अधिकाऱ्याकडेन आपले शाळेचे वळखपत्र/स्पोर्ट्स कार्ड आनी 3 पासपोर्ट आकाराच्या फोटो सयत संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/929

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.